26 January 2025 सकाळी - 7.25

## Republic Day

भारत देश आयज आपलो 76वो प्रजासत्ताक दीस मनयता. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू नवी दिल्लींतल्या कर्तव्य मार्गांवेल्यान, प्रजासत्ताक दीस मनयतना, राष्ट्राचें फुडारपण करतल्यो. प्रजासत्ताक दिसाची परेड आयज सकाळीं 10:30 वरांचेर सुरू जातली आनी सुमार 90 मिनटां चलतली. 47 विमानांनी फ्लायपास्ट करून ही कार्यावळ सोंपतली. मजगती, गोंयचे राज्यपाल श्री. पी एस श्रीधरन पिल्लई आनी मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी, लोकांक प्रजासत्ताक दिसांची परबी भेटायल्या. आयाची प्रजासत्ताक दिसांची राज्य पावडयावेली कार्यावळ, सकाळी ८ जावन १५ मिनटांचेर, तळगाव हांगा गोंय विद्यापीठ मैदानार जातली.

## निती आयोगाचो अहवाल

निती आयोगाच्या अर्थीक थिरताय निर्देशांकात गोंय तिसरया सूवातेर आसा, अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दिल्या. निती आयोगान हालींच जाहीर केल्ल्या अहवाला प्रमाण, गोंयची अर्थीक भलायकी बरी आसा. आयोगान पयलेच खेपे राज्यांचो अर्थीक स्थिरताय निर्देशांक  जाहीर केला. हे क्रमवारींत, गोंय 53.6 गूणां सयत, तिसऱ्या क्रमांकाचेर आसा. पयल्या क्रमांकाचेर ओडिशा (67.8 गूण) आनी दुसरे सुवातेर छत्तीसगड (55.2 गूण) आसा. हो निर्देशांक 2014 -15 ते 2022 - 23 ह्या अर्थीक वर्साच्या, महालेखा परीक्षण अहवालाचेर आदारुन तयार केला.

Govind Gawde

गोंयच्या खेळगड्यांक गोंय सरकार सदाच उर्बा दीता, मात ह्या खेळगड्यांनी तांच्या खेळातल्यान स्वतचे तशेच गोंयाचे नाव काडप गरजेचे, अशे खेळामंत्री गोविंद गावडे हांणी म्हणला. खेळा खात्यान वशीलेबाजीन न्ही, प्रशीक्षीत कुशळ प्रशीक्षकाचीच निवड जातली, अशे मंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला.

28 जानेवारी ते 10 फेब्रुवारी ह्या काळात उत्तराखंण्ड हांगा जावपी, 38व्या राश्टीय खेळा सर्तीत गोयचे 29 खेळगडी वाटेकार जातले. ह्या खेळगड्यांक कीट वाटपाचे तशेच तांका गोंयासांवन उत्तरांखण्ड वचपाक समारोप दीवपाची कार्यावळ, पणजे जाली.

Kabir Sukhija

गोंयच्या पर्यटन मळाक घटमुट करपाखातीर ह्या केद्रीय अर्थसंकल्पाकडल्यान अपेक्षा आसात. खास करून रस्तो आनी विमानतळांचेर बरी साधन सुविधा तशेंच आनीक बरी जोडणी आसप गरजेचे आसा, अशे मत travel and tourism association of goa चे अध्यक्ष कबीर सुखिजा हांणी व्यक्त केला. कोव्हीडाउपरांत आंतरराश्टीय पर्यटकांचे गोयात येवपाचे प्रमाण देवला, हाचेखातीर सरकारान गांभीर्यान लक्ष घालप गरजेचे आनी हे सगळे करपाक राज्य सरकाराच्या पर्यटन खात्याक लागपी नीधीची तरतुद केंद्रीय अर्थसंकल्पात आसचे, अशी प्रतीक्रीया सुखीजा हांणी दील्या.

Budget IT

केंद्रीय अर्थसंकल्पातल्यान IT मळाक उर्बा दीवपाक नीधीची तरतुद आसप महत्वाचे आसा. भलायकी, पर्यटन, हाॅटेल वेवसाय, ह्या सगळ्या मळाक

digital मळाचो तेको लागता, ताका लागुन सरकारान IT based कंपनी, start-ups, हांका उर्बा दीवपाक जाय. ह्या मळार लागपी मनीसबळ तयार करपाच्या दीखेन, काम जावपाक जाय अशी प्रतीक्रीया असोचेम संघटनेचे, IT विभागाचे अध्यक्ष, मांगीरीश सालेलकार हांणी दील्या.

युवा महोत्सव

कोंकणी भाषा मंडळ, राजभाषा संचालनालय गोंय, युवा जैतीवंत दिवचल आनी नारायण झांटये कॉलेज दिवचल हांच्या जोडपालवान, दोन दीस चलपी युवा महोत्सवाचे उक्तावण जालें. आदर्श समाज घडोवपाखातिर तरणाट्यांची युवाशक्त महत्त्वाची आसता. सकारात्मक काम करून तरणाट्यानी राष्ट्रनिर्माणेत महत्त्वाची भूमिका निबोवपाची गरज आसा. आयज सांजवेळा युवा महोत्सवाची सांगता जातली.

Rohan Khaunte Jagor

सांस्कृतीक पर्यटन नेटान चालीक लागत जाल्यार गोंय राज्य पर्यटन मळार आनीक नेटान मुखार वतले अशें पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी सांगले. कला आनी संस्कृती संचालनालयान घडोवन हडिल्ल्या दोन दिसांच्या जागोर महोत्सवाच्या समारोप सुवाळ्यात ते उलयताले. गाळवाडा-प्रियोळ हांगा काल सांजे ह्या महोत्सवाचो समारोप जालो. ह्या समारोप सुवाळ्याक पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे मुखेल सोयरे म्हुण हाजीर आशिल्ले. कला संस्कृती संवर्धनाची जापसालकी आता तरनाट्यांनी भूजार घेतल्या अशें सांगून जागोर महोत्सव आता

चड नेटान मुखार वतलो असो हावेस खवंटे हांणी उक्तायलो. महोत्सवाचे कार्याध्यक्ष तशेंच कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हांचेय ह्या वेळार उलोवप जाले. आमदार आलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स , आंतोन वाझ , जीत आरोलकर , जिल्हो पंचायत वांगडी श्रमेश भोसले थळाव्या पंचायतीचे सरपंच आनी पंच वांगडी तशेंच महोत्सवाचे जाळवणदार हेमू गावडे आनी राजेंद्र गावडे १२ व्या जागोर महोत्सवाच्या समारोप सुवाळ्यांत माचयेर हाजीर आशिल्ले.

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे 7 वरा वीस मिनटांचेर.

नमस्कार